**Panaji regional news**

**24 April 2025, 7.20pm**

**प्रमाणपत्रां**

केंद्रीय युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री डॉ.मनसुख मांडाविया हांणी आयज'डिजी-लॉकरावरवीं खेळां प्रमाणपत्रां जारी करपाचो उपक्रम चालीकलायलो .ह्या उपक्रमांतल्यान खेळगड्यांक राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीयपांवड्यावेल्या सर्तींनी वांटो घेवपाचो वा जिखपाचो पुरावो म्हण डिजिटलप्रमाणपत्रां दितले. खेळगड्यांच्या कामगिरीच्यो नोंदी सुरक्षीत दवरप आनी डिजिटल करप, तशेंच तांच्या प्रामाणीकपणाची हमी दिवप हो ह्या उपक्रमांचो हेतू आसा. चुकीच्या प्रमाणपत्राक लागून जायत्याखेळगड्यांक रोजगार आनी शिक्षणीक संद व्हगडावची पडता ताका आतांआळाबंद जातलो अशें तांणी सांगलें. ऑलिंपिक घडोवन हाडपाचीभारताची महत्वाकांक्षा सांगतना भारताक 2036 वर्सा जावपी ऑलिंपिक आनी 2030 वर्सा जावपी राष्ट्रकुल खेळाची येजमानकी मेळटले असो विस्वास तांणी उक्तायलो.

**लसीकरण**

संवसारीक लसीकरण सप्तकानिमतान आयज नवी दिल्लींत, राष्ट्रीयशून्य हुरहुरे -रुबेला निर्मूलन मोहीम सुरू जाली. देशांतल्या भुरग्यांच्याजिणेचो दर्जो वाडोवपाखातीर 2026 मेरेन हुरहुरे आनी रुबेला

नाकरपाच्या भारताच्या ध्येया दिकेन हें एक पावल आसा अशें भलायकीआनी कुटुंब कल्याण मंत्री जे.पी नड्डा हांणी सांगलें. अंदूं जानेवारी तेमार्च मेरेन देशांतल्या 332 जिल्ह्यांनी हुरहुरे जाल्यार 487 जिल्ह्यांनी

रुबेलाचे एकुय् दुयेंती मेळूक ना अशी म्हायती तांणी दिली . लसीकरणा विशीं जागृताय करपाखातीर पत्रकार परिशद आनी भौशीक बसका घेवपाचें आवाहन सगल्या राज्यांच्या मुख्यमंत्र्यांक आनी मंत्र्यांक तांणी केलां

**प्रशिक्षण कार्यावळी**

गोंयात इकरावी यत्तेखातीर २०२६-२७ शिक्षणीक वर्सासावन राष्ट्रीय शिक्षण धोरण लागू जातले आनी ते तयारेखातीर शिक्षकांक प्रशिक्षण कार्यावळी सुरू जाल्यात. गोवा राज्य शिक्षण प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्थेन प्रशिक्षणाची सत्रां सुरु केल्यात. याच माळेत आयज पोन्या गोंया , उच्च माध्यमिक एकावन्टन्सी शिक्षकांखातीर एका कार्यशाळेचे आयोजन केल्ले. पारूल विद्यापिठाच्या वाणिज्य फांट्याचे मुखेली डॉ. उदित वर्शीत हांणी ह्या कार्यशाळेचे संचालन केले. राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाप्रमाण शिकोवपाच्या पद्धतीत आता मोठे बदल अपेक्षित आसात. ते बदल घडोवपाक शिक्षकांनी नव्यो गजाली शिकून घेवन

आपल्याक नव्या धोरणाच्या अंमलबजावणेक तयार दवरचे अशें डॉ. उदित हांणी सांगले. गोवा एस सी ई आर टीचे समन्वयक गोविंदराज देसाई हांणी येवकाराचे उलोवप केले. अखिल गोंय एकावन्टन्सी संघटनेचे अध्यक्ष लिन्सन थॉमस हांणी मुखेल उलोवप्याची वळख करून दिली.

**नवीन अभ्यासक्रम**

पेडणेच्या सरकारी कला आनी वाणिज्य महाविद्यालयांत सरकारान 2025-26 शालेय वर्सा चार नवीन अभ्यासक्रम सुरू केल्यात. बॅचलर ऑफ बिजनेस एडमिनिस्ट्रेशन (बीबीए), बॅचलर ऑफ सायन्स (बीएससी) इन सायकोलॉजी, बॅचलर ऑफ सायन्स (बीएससी) इन स्पोर्टस् एण्ड सायन्स, आनी बॅचलर ऑफ सायन्स (बीएससी) इन बायोटेक्नोलॉजी अशें नवीन अभ्यासक्रम आसात. विद्यार्थ्यांक ऑनलायन प्रवेश प्रक्रियेविशीं मजत करपा खातीर महाविद्यालयांत हेल्पडेस्क सुरू केला.

नवीन शालेय वर्सा खातीर 11 एप्रिलाच्यान प्रवेश प्रक्रिया सुरू जाल्ली आसून निमाणी तारीख 30 एप्रिल 2025 आसा. बीबीए अभ्यासक्रमाक 60 विद्यार्थ्यांक प्रवेश दितले जाल्यार हेर अभ्यासक्रमांक 30 विद्यार्थ्यांक प्रवेश दितले.

प्रवेशा खातीर https://dhegoa.Samarth.AC.in/index.php/site/login भेट दिवची.

चड म्हायती खातीर आनंद कोळंबकर 9552523521/ 9421247421 हांचे कडेन संपर्क करचो.

**(BLOs)**

भारतीय वेंचणूक आयोगान नवी दिल्ली हांगाच्या इंडिया इंटरनॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ डेमोक्रसी अँड इलेक्शन मॅनेजमेंट संस्थेत बूथ लेव्हल ऑफिसर्स (BLOs) खातीर 2 दिवसांचे प्रशिक्षण आनी क्षमताय वाड कार्यक्रमाचे आयोजन केला.बिहार विधानसभेची वेंचणूक लागी पाविल्ली आसून राज्यांतल्या बीएलओं क प्रशिक्षित करपा खातीर पंगडांनी प्रशिक्षण आनी क्षमताय वाड कार्यक्रमाचे आयोजन करपात येता.बीएलओ क तांची भूमिका आनी जबाबदाऱ्यांची म्हायती करून दिवप आनी त्रुटीमुक्त मतदार यादी सुनिश्चित करप हो प्रशिक्षण कार्यक्रमाचो उद्देश आसा.जगात भारतीय वेंचणीक प्रक्रियेची तोखणाय जाता आनी वेंचणूक प्रक्रियेची म्हायती जाणून घेवपा खातीर ऑस्ट्रेलिया, युनायटेड किंग्डम, अमेरिका, ब्राझील, इजिप्त, फ्रान्स, इंडोनेशिया, इस्रायल, रशिया, दक्षीण आफ्रिका ह्या

सारख्या मोठ्या लोकशाय देशांसयत 141 देशांतल्या तीन हजारा परस चड प्रतिनिधींनीय अशा प्रशिक्षण कार्यक्रमांचो लाव घेतला.

**“प्रयोगसांज**

कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या “प्रयोगसांज” कार्यक्रमात शेनवार ता. 26 एप्रिल 2025  दिसा सांजेच्या 6.30 वरांचेर बहुउद्देशीय सभाघर, संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा बालभवन गोंय, बालभवन केंद्र होंडा साखळी आनी कारापूर हांचे वतीन “रानतळी वाघाचो बळी” ह्या कोंकणी एकांकीका कलाकृतीचे सादरीकरण करपात येतले.  ह्या कलाकृतीचे लेखन डॉ. दुर्गेश चंद्रकांत माजीक,  दिग्दर्शन शाबलो गावकर, पार्शवसंगीत आतिश कारापूरकर आनी निखिल म्हार्दोळकर हांचे आसा.  नेपथ्य-वेशभूषा रोहिल सातोस्कर, मनोज देसाई, विस्मय वळवईकर आनी नृत्य दिग्दर्शन कविता देसाय, अदिवता नाईक, वैष्णवी गावडे हांचे आसा.ह्या सादरीकरणात कु. मयुरेश च्यारी, अदिवता नाईक, तुषार गावस, शुभा मळीक, भुमिका तुळे, आरव गावकर, कविश बेतकीकर, स्वरा मोरजकर, वैष्णवी गावडे, सुमेधा सावंत, सान्वी नावेलकर, प्रणव गावस, साईराज परब आनी प्रणव शिरोडकर हांची भुमिका  आसा.

**उपनगराध्यक्ष**

मडगांवः केपेचे नवे उपनगराध्यक्ष म्हूण आयज अमोल काणेकार हांकां बिनविरोध वेंचून येवपाचे आसात. आयज उमेदवारी अर्ज भरपाची निमणी तारीक आसताना  काणेकार हांचो एकमेव उमेदवारी अर्ज

आयिल्लो. ते वेंचून आयिल्ल्याची अधिकृत घाेशणा फाल्यां जावपी बसकेत जावपाची आसा.

आदले उपनगराध्यक्ष विलियम फर्नांडिस हांणी आपल्या पदाचो राजीनामो दिल्ल्यान रिते जाल्ले पद भरुन काडपाखातीर फाल्या केपे पालिकेत वेंचणूक जावपाची आसली. उपनगराध्यक्ष पदाखातीर अमोल काणेकार हांचेसयत  प्रसाद फळदेसाय ह्या दोन नगरसेवकांनी उमेदवारी अर्ज व्हेल्ले. मात शेवटाक काणेकार हांणी एकल्यानच उमेदवारी अर्ज  भरलो अशी म्हायती पालिका सुत्राकडल्यान मेळ्ळ्या.

**वीज पुरवण**

ता. 26 एप्रिल 2025 दिसा मडगांव शारांतल्या बाबय कॉमर्स फिडराचेर ताकतिकेचें दुरूस्ती काम करपाचें आशिल्ल्यान सकाळी 9.00 ते सांजेची 6.00 वरा मेरेन महालक्ष्मी इलेक्ट्रिकल्स, विजयलक्ष्मी इलेक्ट्रिकल्स, एआयएम सालसेत हायस्कुल, श्रीलक्ष्मी लाईट हाऊस, भारत सेल्स, लाजिन्हा अपार्टमेंट, आना मारिया  अपार्टमेंट, कृष्णा मेटल डीसीबी बँक सामकार, सा. पी. ब्लु चीप को-ऑप. सोसायटी सामकार आनी सरभोवतणच्या वांठारांत वीज पुरवण जावची ना.

ता. 26 एप्रिल 2025 दिसा 11 केव्ही चांदर  फिडराचेर ताकतिकेचें दुरूस्ती काम करपाचें आशिल्ल्यान सकाळी 8.00 ते दनपारां 2.00 वरा

मेरेन टावनशिप, गिरदोली, एकलाटे, एमएसएल फॅक्टरी, जितळे, महालक्ष्मी मंदीर आनी पोकळेमळ वांठारांत वीज पुरवण जावची ना.

ता. 26 एप्रिल 2025 दिसा फोंडा शारांतल्या मेस्तावाडो-2 फिडराचेर ताकतिकेचें दुरूस्ती काम करपाचें आशिल्ल्यान

सकाळी 9.00 ते दनपारां 2.00 वरा मेरेन भवानीनगर आनी सरभोवतणच्या वाठारांत वीज पुरवण जावची ना.

ता. 26 एप्रिल 2025 दिसा वेळ्ळी ग्रामपंचायत क्षेत्रातल्या 11 केव्ही कुमयेभाट फिडराचेर ताकतिकेचें दुरूस्ती काम करपाचें आशिल्ल्यान सकाळी 9.30 ते दनपारां 12.30 वरा मेरेन कुमयेभाट, पाशेल, नागडोळे, पिंपळाफळ, मास्कारेन्हसवाडो, गुरकामरड, होडीजायनो, गोडेबांद आनी सरभोवतणच्या वाठारांत वीज पुरवण जावची ना.

नॅशनल टेस्टिंग एजन्सीन आयोजीत केल्ली संगणक आदारीत नॅट- NET आनी सावित्रीबाई फुले पुणे विद्यापिठान आयोजीत केल्ली सॅट- SET परिक्षा दिवपाक इत्सूक आशिल्ल्या उमेदवारांखातीर उच्च शिक्षण संचालनालया वतीन मार्गदर्शन कार्यक्रम आयोजीत करपात येतलो.नॅट/सॅट मार्गदर्शन सत्रांचो लाव घेवपाक इत्सूक आशिल्ल्या उमेदवारांनी https://forms.gle/99uyy6GTTvy4jwv96. चेर गुगल फॉर्मातल्यान आपली म्हायती भरून नोंदणी करची. गुगल फॉर्मातल्यान आपली पुराय म्हायती सुपूर्द करपाची निमणी तारीख 30 एप्रिल 2025 आसा.

सर्वसामान्य /ओबीसी उमेदवारांखातीर 1000/- रूपया, एससी/एसटी/पीएच उमेदवारांखातीर 500/- रूपया, विद्यार्थ्यां खातीर 250/- रूपया, एससी/एसटी/पीएच विद्यार्थ्यां खातीर 150/- रूपया नोंदणी शुल्क आसा, नोंदणी शुल्क रोख भरपाक जाय. कार्डा खातीर दोन फोटो दिवपाक जाय. जाल्यार ह्या पयली नोंदणी केल्ल्या आनी मार्गदर्शन सत्राक हजर राविल्ल्यांक गुगल फॉर्म भरपाची गरज ना. तांणी थेट मार्गदर्शन सत्राक हजर रावन आपले कार्ड नुतनीकरण करून घेवचे.अर्ज, जातीचो दाखलो, विद्यार्थ्यांचे वळखपत्र, नोंदणी शुल्क भरिल्ल्याची पावती आनी हेर म्हायती तपासल्या उपरांत 5 ते 9 मे 2025 मेरेन उच्च शिक्षण संचालनालय , सांख्यिकी विभाग, दुसरो माळो, एस7-ए एसीईआरटी इमारत, पर्वरी हांगा नोंदणी कार्ड जारी करतले. मार्गदर्शन सत्रां विशीं वेळापत्रक नोंदणी कार्ड जारी करपा वेळार दितले.

चड म्हायती खातीर प्रदिप ए. मराठे-मो. 9420687220 वा सारिका पाळणी-मो. 982352221 हांचे कडेन संपर्क करचो.